# NATIONAL BULLETIN

12TH JAN 2025 6.30 PM

## PM

गांधीनगरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी जर्मनीचे कुलगुरू फ्रेडरिक मेर्झ हांचे मदीं जाल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले बसके उपरांत भारत आनी जर्मनीन संरक्षण, वेपार आनी तंत्रगिन्यान ह्या मळार व्हड प्रमाणांत उपक्रम जाहीर केल्यात आनी द्विपक्षीय संबंदांत नवो अध्याय सुरू केला. भारत आनी जर्मनीन 19 म्हत्वाचे संजिकायेच्या कबलातींचेर स्वाक्षरी करून आठ म्हत्वाचीं घोशणां केलीं, तातूंत द्विपक्षीय संरक्षण उद्देगीक सहकार घटमूट करपा खातीर संयुक्त हेतू घोशणापत्र आनी वेपार आनी गुंतवणूक वाडोवपा खातीर मुखेल कार्यकारी अधिकाऱ्यांच्या माचयेची स्थापणूक करप हांचो आस्पाव जाता. पत्रकार परिशदेंत उलयतना भारतीय विदेश वेव्हार सचीव विक्रम मिसरी हांणी जर्मन कुलगुरू हांच्या भारत भेटींत संरक्षण, वेपार, कुशळटाय, पाचवी उर्जा आनी लोक संबंद अशा क्षेत्रांनी सहकार्य वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रीत करून दोनूय देशां मदीं म्हत्वाची संलग्नताय दिसून आयल्या.

जर्मनीन नवीकरणीय उर्जा, पाचवी हायड्रोजन आनी हवामानाक लवचीक अशा शारी मुळाव्या साधनसुविधांचो आदार दिवपा खातीर पाचवी आनी शाश्वत उदरगत भागीदारी खाला 1.24 अब्ज युरो निधी दिवपाची घोशणा केली.

संरक्षण उद्देगीक सहकार घटमूट करपाखातीर दोनूय राश्ट्रांनी सहविकास आनी सह-उत्पादन हांचेर लक्ष केंद्रीत केल्ल्या घोशणापत्राचेर स्वाक्षरी केली. भारत आनी जर्मनी फकत अर्थीक भागीदार न्हय, तर संवसारीक शांतताय आनी स्थिरताये खातीर कटिबद्ध आशिल्लीं दोन राश्ट्रां अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. ह्या नात्याच्या बळग्याचेर भर दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी द्विपक्षीय वेपार विक्रमी 50 अब्ज डॉलर वयर जाला अशें नदरेक हाडलें. भारत-जर्मनी भागीदारी पाचवी उर्जा आनी प्रगत तंत्रगिन्यानाच्या मळार घातमुत अशें तांणी सांगले . आतंकवादाच्या आड झुजपाक दोनूय राश्ट्रां एकमत आसात अशें तांणी स्पश्ट केलें. वाडिल्ल्या संयुक्त नौदल आनी हवाई दळाच्या व्यायामा सयत हे खोलायेन जावपी लश्करी संबंद भारताक संरक्षण

विविधताय हाडपाक मदत करतले हाचेर मेझ्झ हांणी भर दिलो. अर्थीक मळार फुडाऱ्यांनी भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार करार करून वचनबद्धताय पूर्ण करपाची अशे सांगले . कुशळटाय वाडोवप आनी स्थलांतर करप हें चर्चांचें एक मुखेल केंद्रबिंदू आशिल्लें.

Budget 138

केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 फेब्रुवारी 1 तारखेक आयतारा लोकसभेंत सादर करतले. संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन ह्या म्हयन्याच्या 28 तारखे सावन सुरू जातलें आनी तें 2 एप्रील मेरेन चालू आसतलें. 1 फेब्रुवारीक सभाघरांत सकाळीं 11:00 वरांचेर अर्थसंकल्प सादर करपाची प्रक्रिया सुरू जातली अशें लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदे वेळार ते हे संबंदी एका प्रस्नाक जाप दिताले. हाचे आदीं संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजून हाणी , 28 जानेवारी सावन सुरू जावपी अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो पयलो पांवडो 13 फेब्रुवारीक सोंपता अशे सांगिल्ले .

Pm swami 94

आयज राष्ट्रीय युवा दीस मनयतात . ह्या दिसा स्वामी विवेकानंदाचो उगडास करतात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उप्राष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्वामी विवेकानंदाक तांच्या जयंती निमतान आर्ग ओपलयात . राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान आयज सांजवेळा नवी दिल्लींत जावपी विकसित भारत युवा फुडारी संवाद 2026 साच्या निमाण्या अधिवेशनांत प्रधानमंत्री वांटो घेतले . आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार भारताचे प्रतिनिधित्व करपी तरणाट्या प्रतिनिधीं वांगडा देशभरांतल्या सुमार तीन हजार तरणाट्यां कडेन संवाद सादतले.

WEATHER

भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या दोन ते तीन दिसांत जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, पंजाब, चंडीगढ, हरियाणा, राजस्थान, दिल्ली, बिहार, हिमालय, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात दाट धुकें पाताळपाचो अदमास उक्तायला .